Date : 06/02/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM वाचपी :- सविता बर्वे

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 'परीक्षा पे चर्चा' कार्यावालीत देशातल्या विद्यार्थ्यां वांगडा संवाद सादलो . हयावेलार ताणी परिक्षेच्या ताणतणावक कशें तोंड दिवचें हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. Bytes pm paper pattern 24 sec

दरेका विद्यार्थ्याच्या शिकपाचे गती विशीं शिक्षकांनी संवेदनशील रावपाचो सल्लो प्रधानमंत्र्यानी दिलो. गुणां कडेन वा कुशळटाये कडेन चड झुकल्यार असंतुलन निर्माण जावंक शकता, जाल्यार योग्य समतोल दवरल्यार स्थिरताय आनी वाड सुनिश्चीत जाता अशें तांणी स्पश्ट केलें.

'परीक्षा पे चर्चा' सगल्या पिरायेच्या कोत्यांनीं विद्यार्थ्यांक प्रेरणा दिता अशे केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें. **नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना ताणी हो एक आगळोच उपक्रम आसून विद्यार्थी वर्सभर हया संवादाची हुम्लशीकेन वाट पळयतात अशें तांणी सांगलें.**

70

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन रेपो दरांत कसलोच बदल करूंक ना. तो 5.25 टक्क्यांचेर दवरपाचो निर्णय घेतला. चालू अर्थीक वर्सा खातीर सव्या आनी निमाणें द्विमासिक चलन धोरणाची रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी घोशणा केली. रिझर्व्ह बँकेन गिरायक दर निर्देशांकांतल्या महरगाई अदमासांत सुदारणा करून 2026-27 वर्साच्या पयल्या तिमाही खातीर 4 टक्के आनी दुसऱ्या तिमाही खातीर 4.2 टक्क् केला. मुखेलपणान मोलादीक धातूंचे दर वाडिल्ल्यान महरगायच्या अदमासांत मात्शी वाड जाल्या अशें ताणी सांगलें.

४०

क्रन्द्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज जम्मू-काश्मीरांतल्या कठुआ जिल्ह्यांतल्या आंतरराष्ट्रीय शिमेवेल्या वाठारांक भेट सुरक्षा वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. हयावेलार ताणी

शिम सुरक्षा दळाच्या जवानांखातीर कल्याणकारी येवजण्यो सुरू केल्यो.तशेच ते जम्मू-काश्मीरांतल्या सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर  उच्चल्या पांवड्यावेल्या सुरक्षा पुनर्विलोकन बसकेची येजमानकी चलय्तले.

३०

देशांत आतां मेरेन वट्ट 8.47 कोटी वयर शेतकार वळखपत्रां जारी जाल्यांत. 2026-2 7 मेरेन 11 कोटी शेतकारांक शेतकार वळखपत्रां दिवपाच ध्येय आसा. अशी म्हायती कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी दिली  Bytes,

60

भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलात दोनूय वटांनी म्हत्वाचो बदल घडोवन हाडटा अशें डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला . नवी दिल्लींत जाल्ल्या भारत-ईयू मंचाच्या उक्तावण अधिवेशनांत ते उलयतले. सुरक्षा, संरक्षण, हवामान आनी तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या उफाट क्षमताय आशिल्ल्या हेर पैलूंचेर ताणी उज्वाड घालो. ह्या मंचाच्याक लागून भारत आनी युरोपीय संघटने मदीं संवाद वाडटलो आनी चड समन्वय वाडटलो अशी आस्त ताणी उक्तायली.

२०

भारत-अमेरिका वेपार कबलाती सयत जायत्याप्रस्नांचेर विरोधकांनी  केल्ल्याबोवालाक लागून लोकसभेचे कामकाज पयली  दनपारां 12 मेरेन उपरांतच्या दिसा खातीर स्थगीत केले

३५

फॉस्फेट आनी पोटॅश साऱ्याचें उत्पादन अंदू जानेवारींत 15.76 लाख मेट्रीक टना मेरेन वाडलां.धोरणाचेर आदारिल्ल्या संरचनात्मक सुदारणांक लागून आनी गुंतवणूक-प्रवर्धनाच्या उपायांक लागून खाजगी आनी भौशीक दोनूय माळर  उत्पादन क्षमतेंतूय खूब वाड जाल्या अशें रसायन आनी सारें मंत्रालयान सांगलां.

१५

अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला 170 रेल्वे स्टेशनांचो पुनर्विकास पुराय जाला अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णवान सांगलां Bytes

हवामान २०

फाल्यां मेरेन उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश आनी दिल्लींत दाट धुकें पडपाची शिटकावणी भारतीय हवामान खात्यान दिल्या. तशेच हिमाचल प्रदेशांत शियांच्या ल्हारांचो अदमास खात्यान उक्तायला .

स्पोर्ट्स 25

आयसीसी 19 वर्सा सकायला विश्वचषक क्रिकेट सर्तीत झिंबाब्वेच्या हरारेत भारत आनी इंग्लंडा मदीं निमाणो खेळ सुरू आसा. पयली फलंदाजी करताना  भारत्तान ४११ धावदयो केल्यात .

इंग्लंडा मुखार जैत खातीर४१२     धावदयोची मोख दवारला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर   -